## राजभवनार झारखंड राज्याचो स्थापणूक दीस मनयलो

ता. 17 नोव्हेंबर 2023

राजभवनान 15 नोव्हेंबर दिसा आयोजीत कार्यक्रमात "एक भारत श्रेश्ठ भारत" उपक्रमा खाला झारखंड राज्याचो स्थापणूक दीस मनयलो. राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव कार्यावळीक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना श्री. राव हांणी सांगलें, झारखंड राज्याचो स्थापणूक दीस योगायोगान आदिवासी फुडारी भगवान बिरसा मुंडा हांच्या जयंती दिसा मनयतात. झारखंड राज्य मिनरल्स आनी संस्कृतायेन समृध्द आसा. देशाच्या स्वतंत्रतायेखातीर बिरसा मुंडा हांचे व्हड योगदान आसा. ह्या आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकाच्या त्यागाचो उगडास करपा खातीर भारत सरकार तांची जयंती जनजातीय गौरव दीस म्हूण मनयता. विंगड विंगड राज्यांच्या स्थापणूक दीस कार्यक्रमांतल्यान देशाची अखंडताय मजबूत जावपाक पावता, अशेंय तांणी सांगलें.

उपनियंतो संदेश गडकरी हांणी झारखंड राज्य स्थापणूकेविशीं म्हायती दिली.

ह्या वेळार झारखंड राज्यपालांच्या संदेशाचो व्हिडियो दाखयलो. गोंयांत लश्कर दळांत नेमणूक आशिल्लें झारखंड राज्यातले कांय सैनिक कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/881

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.